# <u>संवसारीक आदिवासी दीस मनयलो</u>

ता. 9 ऑगस्ट 2024

आदिवासी समाजाची संस्कृती ही संशोधन आनी अभ्यासाचे म्हत्वाचे क्षेत्र आसा, अशें गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांणी आयज गोंय राज्य अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती आयोगान संवसारीक आदिवासी दिसा निमतान इन्स्टिट्युट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघर, पणजी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात उलयतना सांगलें.

फुडें उलयतना श्री. तवडकर हांणी सांगलें, आदिवासी संस्कृतीत शिकपा सारखे भरपूर आसा. ह्या सांस्कृतीक दायजाचो अभ्यास करून ती सांबाळून दवरपाची गरज आसा. आदिवासी समाजाच्या पारंपारिक शेतीविशींच्या पद्दतीचो उल्लेख करून ह्या शेत लागवड पद्दतीचो अभ्यास करून तातूंत सुदारणा केली जाल्यार समाजाक भरपूर फायदो जातलो, अशें तांणी सांगलें.

संवसारीक आदिवासी दिसा निमतान गोंय राज्य अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती आयोगान गोंयच्या उच्च माध्यमिक शाळांच्या अकरावी आनी बारावी इयत्तेच्या विद्यार्थ्यां खातीर 'भगवान बिरसा मुंडाची जीण आनी स्वातंत्र्य चळवळ आनी आदिवासी हक्कां खातीर तांचे योगदान ह्या विशयाचेर प्रस्नमंजूशा सर्तीचें आयोजन केल्ले.

सर्तीचे पयले इनाम हरमल पंचक्रोशी हायर सेकंडरी, हरमल पेडणे, दुसरे इनाम सेंट एण्ड्य्रु हायर सेकंडरी, वाडे वास्को आनी तिसरे इनाम सेंट झेव्हिएर हायर सेकंडरी म्हापसा हांकां फावो जाले.

दामोदर हायर सेकंडरी, मडगांव, मल्लिकार्जून हायर सेकंडरी, काणकोण आनी डॉ. के. ब. हेडगेवार हायर सेकंडरी, फोंडा हांकां उमेद वाडोवपी इनाम भेटयले. श्री. नागेश सरदेसाय हे क्विज मास्टर आशिल्लें.

सुरवातीक कामगार आयुक्त श्री. लेविन्सन मार्टिन हांच्या हस्तुकीं कार्यक्रमाचे उक्तावण जाले. गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांच्या हस्तुकीं सर्तीच्या जैतवंत पंगडांक इनांमां भेटयली.

कार्यक्रमाक शिक्षण संचालक श्री. शैलेश सिनाय झिंगडे, आयोगाचे अध्यक्ष श्री. दीपक करमरकर, आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक श्री. दशरथ रेडकर, कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. सगुण वेळीप, खेळां आनी युवा वेव्हार खात्याचे संचालक श्री. अरविंद खुटकर आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/387

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.